- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल अस्तंत आशिया संघर्शाचेर कुवेत, कतार, ओमान ह्या देशांच्या फुडाऱ्यां कडेन संवाद सादलो. या संवादा वेळार अस्तंत आशियांतल्या संघर्शा मदीं देशांच्या सार्वभौमत्व आणि प्रादेशिक अखंडतेच्या उल्लंघनाचो खर निषेध केलो.
- अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या संघर्शाक लागून आडखल्ल्या प्रवाशांची वाहतूक सुनिश्चित करपा खातीर भारतीय विमानन कंपन्यांची आयज 58 उड्डाना  संचालित करपाची येवजण आसा.
- सरकारान आपल्या स्त्रोतांत विविधताय हाडून देशांत ऊर्जेची उपलब्धता आणि किफायतशीरता सुनिश्चित केल्या.
- संरक्षण मंत्रालयान स एमके-III ॲडव्हान्स लायट हेलिकॉप्टर आनी रशियन श्टिल क्षेपणास्त्रां खरेदी करपा खातीर 5,830 कोटी रुपयांचो करार केलो.
- आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 विश्वचषकांत आयज कोलकातात  दक्षिण आफ्रिका आनी न्यूझीलंड ह्या पंगडा मदि सर्तीतली पयली सेमी फायनल जातली.

PM talk – 110
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल अस्तंत आशिया संघर्शाचेर कुवेत, कतार, ओमान ह्या देशांच्या फुडाऱ्यां कडेन संवाद सादलो. या दूरध्वनीवेल्या संवादा वेळार मोदी हाणी या देशांच्या सार्वभौमत्व आणि प्रादेशिक अखंडतेच्या उल्लंघनाचो खर निषेध केलो. भारतीय समुदायाची सुरक्षा आणि कल्याण सुनिश्चित करपाखातीर तांच्या निरंतर पाठिंब्याची प्रधानमंत्र्यांनी तोखणाय केली. प्रदेशात बेगीनात बेगीन शांतता आणि स्थैर्य पुनर्स्थापित करपाखातीर संवाद आणि मुत्सद्देगिरीचे महत्त्व प्रधानमंत्र्यांनी अधोरेखित केले.

PM - 50
भारत आपल्या घटमूट अर्थव्यवस्थे बरोबर जगाखातीर आशेचो किरण जाला अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. नेटान आर्थिक विकास हो 'विकसित भारताचो दृष्टिकोन साकार करपाखातीर महत्त्वाचो आधारस्तंभ जाला अशें तांणी सांगले. प्रधानमंत्री काल सकाळी आर्थिक विकासाची शाश्वतता आणि बळकटीकरण ह्या विषयावेळ्या अर्थसंकल्पा उपरांतच्या वेबिनारांत व्हिडियो कॉन्फरन्सिंग वरवीं उलयताले.

Petroleum – 100
उद्भवत्या जागतिक ऊर्जा परिस्थितीच्या फाटभुयेर, सरकारान आपल्या स्त्रोतांत विविधताय हाडून आपल्या लोक्संख्येखातीर ऊर्जेची उपलब्धता आणि किफायतशीरता सुनिश्चित केल्या. जागतिक पातळेचेर , भारत हो पेट्रोलियम उत्पादनांचो तिसरो सगळ्यांत मोठा आयातदार, चौथा सगळ्यांत मोठा रिफायनर आणि पाचवो सगळ्यांत मोठा निर्यातदार आशिल्ल्याची माहिती पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान दिली. देशाच्या तयारी विशीं मंत्रालयाने सांगले, अल्पकालीन व्यत्ययांक तोंड दिवपाखातीर भारताकडेन कच्चा तेल तसेच पेट्रोल, डिझेल आणि एटीएफ संयत मुखेल पेट्रोलियम उत्पादनांचो पुरेसो सांठो आसा. पश्चिम आशियातल्या उद्भवलेल्या व्यत्ययाच्या फाटभुयेर पुराय देशातल्या पेट्रोलियम उत्पादनांच्या पुरवण आणि साठो स्थितीचेर सातत्यान लक्ष दवरपाखातीर आनी भारतीय गिरायकांच्या हिताची राखण करपा खातीर मंत्रालयान 24x7 नियंत्रण कक्ष स्थापन केला.

Def – 80
संरक्षण मंत्रालयान काल भारतीय तटरक्षक दलाखातीर स प्रगत हलके हेलिकॉप्टर एमके-III आनी भारतीय नौदला खातीर सरफेस टू एअर वर्टिकल लांच क्षेपणास्त्रांच्या खरेदी खातीर पाच हजार त्र्याऐंशी कोटी रुपयां मोलाच्या कंत्राटचार सयों केल्यात. हे कंत्राट काल नवी दिल्लींत संरक्षण सचीव Rajesh Kumar Singh हांच्या उपस्थितीत जाले.
प्रगत हलके हेलिकॉप्टर आनी परिचालन उपकरणां खातीर बेंगळुरूच्या Hindustan Aeronautics Limited कडेन दोन हजार णवशे एक कोटी रुपया मोलाच्या कंत्राटाचेर सयों केल्यात. ही दुहेरी इंजिन आशिल्ली हेलिकॉप्टर सध्या वापरात आशिल्ली हवाई प्लॅटफॉर्मपेक्षा आनीकूय अत्याधुनिक वैशिष्ट्यांनी सुसज्ज आसात.

Maha CM – 50

अमेरिका-इराण संघर्शाक लागून दुबयंत आडकल्ल्या महाराष्ट्रांतल्यान 164 पर्यटकांक राज्यान वेवस्था केल्ल्या दोन खाशेल्या विमानांतल्यान बेगीनूच मुंबय हाडटले अशें महाराष्ट्राचे उपमुख्यमंत्री एकनाथ शिंदे हांणी जाहीर केलां. अकस्मात विमान सेवा रद्द जाल्ल्यान मुंबय, पुणे, ठाणे, मुरबाद, शाहापूरांतल्या ह्या प्रवाशांनी मजत मागली. दुबयच्या महाराष्ट्र मंडळान आनी युवासेनाच्या वांगड्यांनी तांच्या जवणाची आनी रावपाची वेवस्था केली.

Goyal – 100

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी काल सगल्या भागधारक मंत्रालयां,महत्वाचे लॉजिस्टिक्स आनी वेपार सुलभीकरण भागीदार हांच्या बरोबर सल्लामसलत बसका घेतली. उद्भवपी भू-राजकीय परिस्थितीचो आनी भारताच्या निर्यात आनी आयातीचेर ताचो संभाव्य परिणाम हांचो नियाळ बसकेंत घेतलो. निर्यात परवानग्यांचे प्रक्रियात्मक सुलभीकरण, सीमाशुल्क आणि बंदर अधिकाऱ्यांकडेन समन्वय आणि सुरळीत मंजुरी सुनिश्चित करपाखातीर सरकारच्या वचनबद्धतेचो ह्या बसकेंत पुनरुच्चार केलो.

ह्या फाटभुयेर प्रभावी समन्वय, देखरेख आणि पाठपुरवण सुलभ करपाखातीर वित्तीय सेवा विभाग, परराष्ट्र मंत्रालय तसेच हेर मंत्रालयांच्या सदस्यांचो आस्पाव आशिल्लो आंतर-मंत्रालयीन गट स्थापन केला अशें सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत गोयल हांणी सांगलें.

DGFT – 80

परराश्ट्र वेपार महासंचालनालय- (DGFT)न भारताच्या निर्यातीचेर, खास करून पुरवण साखळींतल्या व्यत्ययांचेर, चालू भू-राजकीय घडामोडींचो परिणाम मूल्यांकन करपाखातीर आंतर-मंत्रालयीन गट स्थापन केला. वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयान जारी केल्ल्या नोटीसे प्रमाण पुरवण साखळीचेर परिणाम करपी जागतीक घडामोडीचे हो गट निरीक्षण करतलो

Aviation – 90

अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या संघर्शाक लागून आडखल्ल्या प्रवाशांची वाहतूक सुनिश्चित करपा खातीर भारतीय विमानन कंपन्यांची आयज 58 उड़ाना  संचालित करपाची येवजण आसा. तातूंत इंडिगोचीं 30 आनी एअर इंडिया आनी एअर इंडिया एक्सप्रेस हांचीं 23 उड्डाणाचो आसपाव आसात अशें नागरी विमानन  मंत्रालयान सांगलां.
अस्तंत आशियांतल्या हवाई क्षेत्रांतल्या परिस्थितीक लागून आतां मेरेन भारतीय विमान कंपन्यांचीं 1,200 वयर उड्डाणां आनी परदेशी विमान कंपन्यांचीं सुमार 380 उड्डाणां रद्द जाल्यांत अशें नागरी विमान वाहतूक मंत्रालयान सांगलां. मंत्रालय परिस्थितीचेर बारीकसाणेन नदर दवरता आनी अडकलेल्या प्रवाशांची वाहतूक सुलभ करपा खातीर खाशेली वेवस्था सुरू आसा.

Oil – 40

मध्य पूर्वेतल्या वाढत्या संघर्षाक लागून आंतरराष्ट्रीय बाजारात गॅसाचे दर वाडल्यात. संवसारीक शेअर बाजारांतुय घसरण जाल्या. सोमारा व्हड प्रमाणांत वाड जाले उपरांत काल ब्रिटनांत गॅसाचे दर तीन वर्सांच्या उच्चांकाचेर पावल्यात. मजगतीं, अमेरिका आनी युरोपांतल्या शेअर बाजारांत व्हड प्रमाणांत घसरण जाल्या.

Gujarat – 55

गुजरातांत आध्यात्मिक आनी दायज पर्यटनाक चालना दिवपा खातीर राज्य सरकारान एकाच दिसा 28 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांक मान्यताय दिली. या प्रकल्पांत राज्याचें इतिहासीक दायजाचे जतन करताना यात्रेकरुं खातीर सुविधांचे आधुनिकीकरण करप हो हाजो हेतू आसा. ह्या प्रकल्पांत नामनेच्या हर्षद माता देवळाची सर्वांगीण उदरगत आनी जुनागढांतल्या इतिहासीक उपरकोट किल्ल्याचो जीर्णोध्दार हांचो आस्पाव जाता.

IMD – 25

हवामान खात्यान आयज जम्मू, काश्मीर, लद्दाख हांगा हलको पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच आयज सकाळीं सिक्किमांतल्या कांय सुवातींनी दाट धुकें पडपाचो अदमास खात्यान उक्तायला.

T20 – 50

आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 विश्वचषकांत आयज कोलकाता हांगाच्या ईडन गार्डन्सांत  दक्षिण आफ्रिका आनी न्यूझीलंड ह्या पंगडा मदि सर्तींतली पयली सेमी फायनल जातली. भारतीय वेळा प्रमाण सांजवेळा 7 वरांचेर मॅची सुरू जातली.

फाल्यां मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांत जावपी दुसरे सेमीफायनल मॅचींत भारत इंग्लंडा आड खेळटलो.